Akashvani Panaji

Regional News

14-9-26 7:20 PM

<u>मुखेल खबरो</u>

- गोयातूय चवथीची परब भक्तीभावान मनोवपाक सुरवात जाल्या
- हिंदी भाषेन देशांतल्या वेगवेगळ्या समुदायांक जोडपाचो वावर केला अशें केंद्रीय घरमंत्री अमीत शाह हाणी सांगलां.
- गोय कोयर व्यवस्थापन महामंडळान फाटल्या तीन आर्थिक वर्सांनी पोरनीं आनी वापरूंक मेळनात अशा वाहनांचे पावणे वरवीं 4.69 कोटी रुपयांचो महसूल मेळयलो.
- काणकोण श्रमधाम ह्या घरां उबारपाच्या उपक्रमाक बरो प्रतिसाद मेळटा.

गोंयांत आयज सकाळीं विघ्नहर्त्या गणरायाचें विधिवत आगमन जाल्ल्यान जळामळा चवथीचें उमेदीचें वातावरण तयार जाल्लें दिसता. चवथ हो गोंयचो समाजीक आनी भावनीक एकचार सादपी सगल्यांत व्हडलो सण आशिल्ल्यान गोंया भायर नोकरी धंदो वेवसाया निमतान आशिल्ले गोंयकार आपल्या गांवघरा जोडकुटुंबांत आयल्यात. देड दिसाचें पूजन आनंदान चालू आसा.

गणपतीमुखार जी माटोळी आसा तातूंत पारंपारीक वनस्पत, फळां, नेवऱ्यो, मोदक आनी हेर नग लायिल्ले दिसतात. माटोळी ही संपन्न समृध्द  वनस्पत विविधतायेचें प्रतीक.

गोयांत चडशा घरांनी देड दिस गणपती आसता. कांय घरांनी 5 दीस लेगीत पूजन जाता. हालींसराक गोयात सार्वजनिक गणपती उत्सव वाडल्यात. तातूंत तरेकवार कार्यावळी सर्ती किर्तना व्याख्यानां हांचो आसपाव जाता. ह्या कार्यावळींतल्यान प्रबोधन करपाचेर भर आसता. तरणाटे भुरगे घुमट आरतींनी वांटेकार जातात ही बरी गजाल थरल्या.

शारांतल्यान लोक गांवघरा वतात देखून शारांत पुलीसांनी बंदोबस्त वाडैला आनी रातीची गस्त पाळत कडक केल्या. चवथी निमतान घरचे सगळे सोयरे येवन भक्तीभावान आरती करतात तेन्ना भावपण प्रेम हांचे बंध घटमूट जातात. हे खेपे चवथीच्या सामानाचे बाजार वाडिल्ल्यान लोकांक सगलें सामान एकेच सुवातेर घेवप बऱ्याक पडलें.

मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी आपल्या गांवघरा कोठंबी गांवात गणेशाची पूजा केली. ताणी गोंयकारांक चवथीचीं परबीं दिलीं. आपल्या एका सोशल मिडीया पोस्टांत मुखेलमंत्र्यांनी वेळगेच्या श्रीमती हायस्कूलान तयार केल्या पर्यावरणस्नेही गणेश प्रतिमेची तोखणाय केल्या.

श्रीमती हायस्कूलान पद्मीनी फावंडेशनाच्या पालवान कडुणांच्या आदारान तयार केल्ल्या ह्या प्रतिमा प्रकल्पाचें फुडारपण  कला शिक्षक योगेश कवठणकार हाणी केलें.

गोंयातल्या अन्नपदार्थ कर्मचाऱ्यांचेर सरकारी देखरेख वाडटली. प्रशासन ह्या कर्मचाऱ्यांची भलायकी स्थिती, पोलीस पारखणी हे खातीर एक व्यापक मोहिमेची तयारी करता. ही मोहीम रोखडीच सुरू जावपाची आसा. नेटान विस्तारपी ह्या मळाचेर सरकारान अधिक नियंत्रण दवरपाचें थारायालां.

बसका जाली तातूंत येरादारी विभागान फुडाकार घेवपाचो आनी पोलीस तशेंच भलायकी विभागाच्या अधिकाऱ्यांक तातूंत वांटेकार करून घेवपाचो निर्णय जालो.

फूड डिलिव्हरी कर्मचारी संसर्गजन्य रोगां पसून मुक्त आशिल्ल्याची खात्री भलायकी तपासणी यंत्रणा करतली.

डिलिव्हरी कर्मचारी वापरतात त्या गोंया भायर नोंदणी केल्ल्या दुचाकींचो आंकडो ल्हान ना. येरादारी विभाग ह्या वाहनांच्या नोंदणीचो तपशील,  तीं कितल्या तेंपा सावन गोंयांत आसात, तांचो वापर कसो कित्या खातीर करतात आनी चालकां कडलीं कागदपत्रां हांची तपासणी करपाची शक्यता आसा.

आज देशभर 'हिंदी दिस' मनैतात. 1949 वर्सा याच दिसा संविधान सभेन देवनागरी लिपींतले हिंदी भाषेक देशाची अधिकृत भाषा (राजभाषा) म्हणून मानून घेतिल्ली. आज हिंदी ही जगात सगल्यांत अदीक उलयतात त्या भाशापैकी एक असून 52 कोटीं परस अधिक लोकांची ती आवयभास आसा.

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आज नवी मुंबईत राजभाषा पुरस्कार प्रदान केले.

गोय कोयर व्यवस्थापन महामंडळान फाटल्या तीन आर्थिक वर्सांनी सरकाराचीं 838 पोरनीं आनी वापरूंक मेळनात अशीं वाहनां पावणी करून विकल्यांत. या पावणेतल्यान राज्याच्या तिजोरेंत 4.69 कोटी रुपयांचो महसूल जमा जालो.

सरकारान दिल्ले म्हायतीप्रमाण, महामंडळान २०२३-२४ या वर्सा 121 वाहनां, २०२४-२५ वर्सा 61 वाहनां आनी २०२५-२६ वर्सा 656 वाहनां पावणी करून विकलीं.

या वाहनांनी बस, जीप, मोटारसायकल, रुग्णवाहिका , क्रेन, ट्रक आनी हेर उपेगाची वाहनां आस्पावतात. हीं वाहनां सामान्य प्रशासन खातें, पोलीस, भौशिक बांधकाम खातें , भलायकी खातें, वीज खातें आनी कदंब महामंडळाचीं आशिल्लीं.

खेरीज इबाडील्लीं आनी वापरूंक मेळनात अशीं आणीक 120 वाहनां कावलाक दिवपाची प्रक्रिया महामंडळान सुरू केल्या.

पर्वरी फ्लायओव्हराचेर दुचाकी चलोवपाचेर बंदी घाल्या. हे विशीची अधिसूचोवणी भौशीक बांदकाम खात्यान जारी केल्या. तशेच पर्वरी हांगा अटल सेतूलागी फ्लायओव्हराचेर प्रवेश करपी पॉयंट लेगीत बंद केल्या. फुडल्या आदेशा मेरेन ही बंदी आसतली. येरादारीचें प्रमाण तशेच सुरक्षेचो नियाळ घेतले उपरान फुडलो निर्णय जातलो. ह्या मार्गाचेर आडखळी म्हळयार बॅरीकेडस तशेच चिन्ह फलकांची वेवस्था जातली.

खेळ, कला आनी संस्कृती, आदिवासी कल्याण मंत्री तशेंच काणकोणचे आमदार रमेश तवडकार हाणी 'श्रम धाम' उपक्रमां खाला काणकोणातल्या गावदोंग्री हांगासर नव्यान बांधील्ल्या घराच्यो चावयो संबंधित कुटुंबाचे सुवादीन केल्यो.

'श्रम धाम' हा 'श्रमदाना'च्या भावनेचेर आधारित एक लोक-केंद्रित उपक्रम आसा. यामध्ये समाजातील विविध घटकांकडून मिळणारे स्वयंस्फूर्त कश्ट, सामूहिक यत्न आणि सहकार्य यांची सांगड घालून गरजू कुटुंबांना घरां उभारण्याक मदत करतात.

आंतरराष्ट्रीय चार्टर विमान सेवांचो हंगाम अनू बेगीन सुरू जावपाची शक्यता आसा. रशियांतल्यान पयली विमानसेवा ह्या म्हैन्याचे अखेर मेरेन येवपाची शक्यता उकतायतात. युके सावन चार्टर विमानां नोव्हेंबरात सुरू जातलीं ; आठवड्याक चार विमानां आसूं येता. गेल्या वर्साच्या ह्याच काळांतले तुळेन तें प्रमाण सुमारे 7 टक्क्यांनी अधिक आसपाचो अदमास उकतायतात. गेल्या वरसाचे तुलनेत ह्या शियाळ्या खातीर रशिया आणि कझाकस्तानातल्यान

जावपी आगाऊ बुकिंगात वाढ दिसून आयल्या. ऑक्टोबर वा नोव्हेंबर उपरांत हे वर्षीच्या आकडेवारी विशीं अंदाज बांधप शक्य होईल.

शेतकारांक गायो आसात तांचें प्रजनन आरोग्य आनी गर्भधारणेची शक्यता सुधारपा खातीर पोषण आणि हार्मोन-आधारित तंत्रज्ञानाचें प्रशिक्षण दिवपाक सुरवात जाल्या. आयसीएआर-कृषी विज्ञान केंद्र, उत्तर गोंय हाणी, पशुसंवर्धन आनी पशुवैद्यकीय सेवा खात्याच्या सहकार्यान, हालींच एक कार्यावळ जाली. तिका बरो प्रतीसाद मेळ्ळो. 'पुनरावृत्ती प्रजनन' म्हणजे अशी स्थिती, जातूंत गाय जायते खेपे कृत्रिम रेतन करूनूय गाभणी उरना. हे समस्येवर शेतकारांक मार्गदर्शन केलें. तज्ञांनी तांचे दुबाव पैस केले. गायींचें रेतन वेळार करचें असो सल्लो शेतकारांक दिलो. पशु प्रजनन शास्त्रज्ञांनी शेतकारांक न्यूट्री-हार्मोनल थेरपीची वळख करून दिली.